**डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स वसणुकवादाआड आवाज काडपी एक पयले फुडारी- श्री. फळदेसाय**

ता. 30 मे 2025

गोंय मुक्ती खातीर सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांणी पोर्तुगिज संसदेत आवाज काडलो. तांणी नागरी स्वातंत्र्य, शिक्षणीक सुदारणा, अर्थिक उदरगत आनी न्याया खातीर युक्तिवाद केलो. न्हय फकत गोंयच्या बाबतीत जाल्यार पुराय भारतभरांतल्या लोकांच्या हक्कां खातीर तांणी वसाहतवादा आड आवाज काडलो, अशें समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी आयज नावेली-साश्ट हांगा सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांच्या जयंती कार्यावळीत उलयतना सांगलें.

डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हे एक उत्कृश्ट संसदपटू, नामनेचे अर्थतज्ञ, इतिहासकार, कथाकार तशेच देशभक्त आशिल्लें. तांका आपल्या मायभुयेंविशी मोग आशिल्लो. 32 वर्सांच्या पिरायेचेर ते पोर्तुगिज संसदेत वांगडी म्हूण वेंचून आयले. 1861 ते 1869 मेरेन तांणी सेवा केली. गोंयचे प्रतिनिधी म्हूण तांणी लिजबनात आपल्या मायभुयेंच्या लोकांचो आवाज जावन प्रस्न मांडले, अशें फळदेसाय हांणी सांगलें.

डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स ट्रस्टाचे अध्यक्ष आनी आदले मुख्यमंत्री लुईझिन फालेरो हांणी डॉ. गोम्स हे गोंयचे पुत आशिल्लें, तांणी गोंय आनी देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आवाज काडलो. ते वैजकीय डॉक्टर आशिल्लें, पुण तांची दुरदृश्टी खुप व्हड आशिल्ली. तांका मुक्त वेपार, भु-सुदारणा, शिक्षण आनी हेर क्षेत्रातले गिन्यान आशिल्लें. ते सदाच लोकांच्या हक्कांखातीर लढले, अशें तांणी सांगलें.

सुरवातीक मानेस्तांनी सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांच्या पुतळ्याक फुलांहार घालून आर्गां ओपली.

पेरीश प्रिस्ट फा. गाब्रियल कुतिन्हो दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष रोहिदास देसाय, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी रमेश गावकर, उपजिल्हाधिकारी गणेश बर्वे, शब्बिर महम्मद, एसपी तिकम सिंग वर्मा आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक हजर आशिल्लें.

आवितो पिरिस द मिनेझिस हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/508

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.